# तांब सुर्या हांव



कविता

- प्रकाश द. नायक

आशावादी प्रकाशनाचें डिजिटल पुस्तक

# तांब सुर्या हांव

प्रकाश द. नाय्काच्यो कविता

**आशावादी प्रकाशनाचें डिजिटल पुस्तक**

**Tamb Surya Hamv** - *A collection of Konkani poems written by* ***Prakash D Naik****, edited by* ***Valley Quadros*** *and digitally published by Ashawadi Prakashan.*

(C) ASHAWADI PRAKASHAN

First Edition : 2022 (Digital)
Copyright : Author
Cover : Enigma Creations, Goa
Layout : Enigma Creations, Goa
Pages : 96 + 2

For communication **Email**: ashawadi@gmail.com
**WhatsApp**: 7021967880

# तांब सूऱ्याचीं रुपां



ह्या आमच्या देशांत भोव त्रासाचें काम खंयचें? म्हळ्ळें प्रश्न केल्यार कोण सांग्तीत खर्कट्या वोतांत खडपाचीर फातर फुटंवचें. आयच्या काळार मनशाचें काम कर्चीं यंत्रां-तंत्रां आसात पूण अजून रसत्याचें काम कर्चे मनीस खूप मिनत कर्तात. व कोण म्हणतीत दरया वादाळांत नुसतें (मासळी) धरचें, वा अनी कोण म्हणतीत लंकडाक उज्यांत पिगळावन आयद कर्चें. पूण हकीगतेंत भोव त्रासाचें काम म्हळ्यार शिक्षण दिवपाचें.

आयच्या काळार शिक्षण सब्धान सयत अपल्या अर्थाक वेगळाचार दिला देकून शिक्षण खरया अर्थान एक बजार जाला शिकवपी त्या बजाराचे दल्लाळ कशे आसात. आनी कित्याक लागून हें भोव त्रासाचें म्हळ्ळें प्रश्न आमी समजुयां. खर्कट्या वोतांत खडपी फात्राचें काम कर्तेलो जांव, उज्यांत लंकड लासून आयद कर्पी जांव कुडिंत थक्ता आनी रातिची शांतेची नीद काडुंक सक्ता कित्याक म्हळ्यार तो मिनत कर्ता. पूण शिकपाचो वयवाट कर्पी स्वता जाणां, ज्यें शिकवप, जी आदर्शां, जीं सतां, जीं नीत, जीं मनशा मौल्यां तो शिकयता, पयलो स्वता तीं पाळिना. आनी अपणाथंय अंतरमन आसा म्हळ्ळो स्वता जाणां हें खरोखर सत म्हणून. जेदनां अपूण तीं आदर्शां पाळिनासताना दिंवच्या शिकवपाक तीं विध्यार्थी सयत पाळिनांत म्हळ्ळेंय तो नख्खी जाणा. तरिकूय शिकवप म्हळ्ळो डोंग, शिकवप म्हळ्ळो सर्कस, शिकवप म्हळ्ळो बजार चलुंकच जाय. आनी असलें शिकवपाचें काम मेळुंक सयत लोंच दिवून आयिल्लो शिक्षक अपली जीणभर शिक्षण, आदर्श, सत-नीत म्हळ्ळो पाठ फकत शिकयता आनी तीं आयकल्लीं विध्यार्थी सयत तीच फट सोभीत थरान मारून क्लाशिंत चड अंक जोडता आनी ही समाजीक शिंकळ/वेवसता अशीच मुकार वेता.

आमची समाज केदिंच मौल्याधारीत समाज न्हय. हांगासर मौल्यांक मोल ना. आमची समाज अंक-आधारीत. देकून आमच्या समाजेंत शेंभोरांत चड अंक जोडलेल्यांक मात्र मान मेळता, रेंक मेळता आनी काम मेळता. ते अंक कशे जोडल्यात म्हळ्ळें कोणाकच पडून गेल्लें ना, व ह्या दिशेन चिंतुंक कोणाकच नाका. एकाधावेळा एकलो परिक्षेंत नक्कल करून पास जाता अन्येकलो त्या सत-नीत-आदर्शांक लागून नक्कल करिनासताना फेयल जाता तर समाजेन नद्रेन कोन जिक्ता आनी कोण सलवता म्हळ्ळें समजुंक पयथागोरस, डार्वीन, न्यूटन, प्लेटोक वासची गर्ज ना. आतां असल्या अंक-आधारीत समाजेंत उदेवन आयिल्लेच फाल्यांचे मुकेली, दोतोर, वकील, शिक्षक जाले तर जांवची धेस्वाट पळेयात; मुकेली अपलो गांव-देस विकुंक, दोतोर पिडेसतांची किडनी काळीज विकचो दंदो करुंक, वकील कानूनाक विकुंक, साहीतकार पुरसकाराक लागून अपणाक विकुंक, शिक्षक अपल्या शिक्षणाक विकुंक पाटीं सराना. आनी असल्या वेवसतीत 'अव्यवसतेक' फूड करून, पळेवन, सोसून जियेल्लेशिवाय निर्वोग ना.

पूण जेदना ह्या शिक्षकाच्या जाग्यार एक कवी उभो जाता, तेदना थंयचर तळमळे उदेतात. वाचप्याच्याकी चडीत कवी मेळच्या आयच्या काळार कवी म्हळ्ळो सब्ध सयत अपल्या अर्थाक वेगळाचार करुंक लागलासतां 'कोण कवी' म्हळ्ळें अन्येक प्रश्न. दुर्भागपणांत कवी सयत समाजीक विकाळ वारें सेवून तेंच विकाळ चिंतप वोंप्तात आनी पयलेंच मोडलेल्या समाजेक च्युरान च्युरे करून मिरयतात. बाब प्रकाश द नायक एक कवी, शिक्षक पूण मावन रांवचो न्हय, प्रश्न कर्चो, आवाज उटंवचो आनी ह्या पुसतकांतलीं एकेक कविता ताच्या वेग-वेगळ्या भावनांची गवाय दितात.

*माच्येर रावोन अन्याय सोसूं नाका म्हणप्याचो*
*माच्ये सकयल मात अत्याचार कर्प्यांचो*
*ताचे आड आवाज काडिनासताना रावप्यांचो*
*हो देश कित्याक जालो भिजुडांचो?*
*हो देश कित्याक जालो हिजड्यांचो?* (**हो देश म्हजो**)

हांगासर तो शिक्षक ज्या शिक्षण वेवसतेंत उदेल्ल्या राजकीय फुडारिंनी देशाक दिंवच्या लिसांवाची वळख करून दिता. बोल्यां भंवारीं तो मारिना (ऑज्ञ्ळत्फ्ञ ख्व्फ्छ ळ्ण्ज घ्ल्ण्), बगार शीदा उत्रांनी अपली शीण अभिव्यक्त कर्ता.

*बावटो हुभवन ताचोच सोपूत घेवप्यांचो*
*तीतेर हात दवरून खरें तेंच उलयतलो म्हणप्यांचो*
*प्रत्यक्षान मात फटूच मार्प्यांचो*
*हो देश कित्याक जालो भिजुडांचो?*
*हो देश कित्याक जालो हिजड्यांचो?* (**हो देश म्हजो**)

मनीस अपणाक वयर येवपाक कोणाकच व कित्याकच सकला वोडुंक पाटीं आराना म्हळ्ळें सुटावें सांग्ता. बदलून वेच्या काळार ह्याच विकाळ चिंत्पाक लागून काळें आसलें धवें जाता आनी धवें आसलें काळें जाताना पद्वी, अधिकार म्हळ्ळो हंकार मुटिंत घेवन अराजकतेंत मिरंवचें अशें दिसता;

*देवळांतलो देव आमचोच*
*पुजारीय आमचोच*
*अमीच बसयला ताका*
*थंय आमच्या देवळाचे सरवळेंत!*

*खबरदार*
*आनीक कितेंय चड मागशात जाल्यार?* (**म्हाजन आमी**)

मनश्याक सयत कटपुतळिपरीं नाचंवचें सदांचें जालां. हांगासर दोन प्रकाराचें चिंत्पी समाजेंत जियेतात. पयलो; जेदोळ पासोन अपणाक कितेंच बादक जायना तेदोळ पासोन तो वगोच रावता. दुस्रो: हेरांचेर जाल्लो वा जावन आसचो अन्याय, अनीत, अत्याचाराचो विरोद कर्ता, प्रश्न कर्ता. आनी एका प्रामाणीक कविची मुळावी जवाभदारी सयत हीच.

अशें म्हणून ह्या पुसतकांतल्यो सर्व कविता एका प्रकाराच्यो भिल्कूल न्हय. जशें पुसतचें नांव सांग्ता 'तांब सूऱ्या हांव' , एक सूऱ्याचीं रुपां सयत वेग-वेगळीं. फांत्यार उदेल्लो सूऱ्या तांबसो आसून प्रशांत कसो दिसता, पूण वेळ गेल्लेपरिंच त्या सूऱ्याचीं किर्णां ताप्तात आनी दनपाराचो सूऱ्या धवो पर्जळीत आसून सांज जावन येताना परत तांबडो जावन पयशिल्या दऱ्यांत बुडता अशें भग्ता.

ह्या पुसतकांत सयत असल्याच भावना/संवेदनांचीं कविता आसात. राग-मोग-निरास-आवेश अशें दरेक भगणांनी भरललीं कविता वाचुंक मेळतात.

*बोडकें जाता बोंड*
*आंगभर आंकुरता*
*फागूर फांकारता*
*घेवन नवो कोंब!* (**झाड झडता आनी...**)

कवितेंत बदलावण केदनांय एख नवी सुर्वात दिता तें समजयताना; कवितेच्यो वळी कांय तात्वीक ( *Philosophical*) नियाळ करून दितात.

*मदींच मसतो वारो अडखळटा*
*पर्तून हांव धो धो कोसळटा*
*थेंब थेंब तुज्यांत विर्घळटा*
*माती तुजी वथांब्यांनी मिसळटा*

*म्हाका काळ वेळ लाग्गा..!* (**म्हाका काळ वेळ लाग्गा..**)

हांगासर सूऱ्या जशें धर्तेक सांग्ता म्हाका काळ वेळ लाग्गा तशेंच कवी अपणाविशीं समाजेक सांग्ताशें भग्ता.

*बायल*
*ओल*
*काळीजखोल*

*बायल*
*मूळ*
*कसतूर पर्मळ.* (**ती**)

सोभीत उत्रांनी एका असतुरेक उत्रांनी इमाज जावन उभी कर्ताना ही कविता परत वाचुंक कर्ता.

*तुज्या चंद्राची वळख*
*म्हाका नवीच आसली*
*देखून फुंक्तालो नव्येर* (**हो चंद्र तुजोच**)

ही कविता कांय एका अर्थाचीच न्हय. खूप वेगळ्या रितीन ही समजुयेता.

*आतां हातांत*
*एक बंदूक जाय*
*गुळ्यो घाल्पाक*
*छाती जाय* (**बंदूक काय लिखणी**)

पुसतकाच्या अखेरीक कवी अपल्या खरी वळख परत सांग्ता, अपूण एक कवी, हांगासर अपली बंदूक लिखणी. जी केदिंच थकची न्हय म्हणोन.

हें पुसतक वाचलेल्यांक बाब प्रकाशाची समाजीक काळजेविशीं समजुंक चड वेळ लागाना. एक वावराडी, एक शिक्षक, एक कवी, एक समाजीक कार्यकर्त पूण सर्वांच्याकी पयलें एक कोंकणी भाशीक मोगी जावन ह्या पुसतकांचीं कविता वाचून अंभोट केल्ल्यांच्या गळ्याक लासवंक कारण जरूर जाता.

**वल्ली क्वाड्रस**
संपादक: पयणारी.कोम
प्रकाशक: आशावादी प्रकाशन
४ माय २०२२

# सुरवेचीं उतरां

नमस्कार!

'तांबसुर्या हांव' हें म्हजें पयलेंच डिजीटल पुस्तक. हें काडपाचो मोह आशावादी प्रकाशनाक आनी तांतल्या तातूंत वल्लीबाब क्वाद्रूसाक जालो हो म्हजे कवितेचो सन्मान अशें हांव समजतां.

'तांबसुर्या हांव' हो कविता संग्रह वाचून तुमी तुमच्यो प्रतिक्रिया दितले अशी आस्त म्हाका आसाच पूण त्यो बऱ्यो आसात वा वायट आसा इतल्याचेरूच रावून तुमी प्रतिक्रिया दिवंच्यो न्हय, तर ह्या कवितांचें रसग्रहण जावंचें अशें म्हाका दिसता. वाचक आनी समिक्षक ह्या कवितांचेर तर्कशुद्ध रितीन विचार मांडटले अशी आस्त बाळगितां.

एकाद्री कविता बरी जाल्या काय वायट जाल्या हें स्वता पयलीं कवीच सांगूंक शकता. बरी जाल्यार तो ती वाचकवर्गा मुखार हाडटा पूण स्वता कवीकूच जर ती भावलिना जाल्यार तो ती कुशीक काडून दवरता. म्हाका दिसता, ज्यो कविता ह्या कविता संग्रहांत आस्पावीत केल्यात त्यो सगल्यो म्हज्यो स्वताच्यो संवेदना उक्तावपी आनी पर्यायान समाजीक संवेदना उगत्यो करपी आसात. आयचो समाज जागृत आसून न्हिदेचें सवंग घेवन पडला ताचेर बडी मारपी आसा. जो समाज दिसानदीस दांभीक जायत चल्ला अशें जाणवपाक लागला, ताका उठोवपाचो यत्न ही कविता करता, अशें हांव म्हणन. हो म्हजो यत्न फळादीक जालो जाल्यार हांव म्हणन म्हजी कविता सार्थकी लागली.

तिडक, मोग, आनंद, विरह, वेदना, संवेदना, अन्याय, अत्याचार ह्या गजालींक मुखार हाडप, बरें तें बरें आनी वायटाक वायट म्हणप ही कवीची लागणूक अशें हांव समजतां. चार वणटी मदीं बसून 'हाका वायट दिसतलें काय ताका वायट दिसतलें' अशें चिंतून ह्यो कविता बरोवंक नात.
कवीक तें सोबना, न्हय अश्या वृत्तीच्या कवीन कविता बरोवंच्योच न्हय अशें म्हजें मत.
हे कवितेंत दाखय लिपय ना वा निखटें सौंदर्यूच ना. जें कितें आसा तें आसा.

हांव एक शिक्षक कवी. मुळांत शिक्षक आशिल्ल्यान म्हाका बरें तें दिसना अशें न्हय, पूण जें वायट तें दिसता आनी तें बरें करपाचो यत्न कवितेच्या माध्यमांतल्यान काय जायना, तो जाला अशें म्हाका दिसता. हांव मुळांत शिक्षक जाल्ल्यान दर एक गजाल चिकित्सक नदरेन पळोवप जाता. इतल्या वर्सांच्या अणभवा उपरांत आतां कोणेय जर चिकित्सक नदर सोडून कविता बरय म्हणल्यार आतां तें शक्य जावंचेंना. कारण तें आंगवळणी पडलां. आतां बदलप शक्य ना.

खूब जाणांनी म्हजे कवितेचेर मोग केला. फेसबुकाच्या माध्यमांतल्यान ती वाचकां मुखार आयल्या. सादो वाचक आनी प्रगल्भ वाचक ह्या दोगांनीय आपल्याक ती भावल्या त्या प्रमाणे ती स्विकारल्या.

कवितेखातीर कवीक स्विकारप हें खूब थोड्या कवींच्या वांट्याक येता. वाचकांचो एकूण प्रतिसाद पळयल्यार म्हाका तांणी स्विकारला अशेंच म्हणचें पडटा!

एका कवीक आनीक कितें जाय?

देव बरें करूं.

तुमचो

**प्रकाश द. नायक**

# प्रकाश द. नायक



प्रकाश द. नायक: प्रकाश दत्ताराम नायक वृत्तेन एक शिक्षक. गोंयच्या शारदा इंगलीश हैसकूलांत पाटल्या ३३ वर्सां थावन वावर करून आसा पूण नामणेचो कोंकणी वावराडी आनी कवी. ताचे ’चैतर’, ’कसतूरगंध’, ’कुटळ’, ’असतुरी: शिमेभायलें मळब’ म्हळ्ळे कविताजमे पर्गटल्यात. सभार कविगोश्टिंनी, कविसम्मेळनांनी, रेडियो, दूरदर्शनांत सयत कविता वाचल्यात.

# धिन्वास तुमकां

आशावादी प्रकाशनाच्या डिजिटल मिसांवाक पाटिंबो दिलेल्या तुमकां समेस्तांक काळजामनाचे धिन्वास



- मानेस्त रोनालड कोलासो, दुभाय
- मानेस्त फेलिक्स लोबो, खतार
- मानेस्त मायकल डी'सोज, दुभाय
- मानेस्तीण मोनिका डे'सा मथायस, डबलीन
- मानेस्तीण मागदलेन बारबोज आनी कुटम, शीरवां
- मानेस्त रोनालड मोंतेरो, कटपाडी
- मानेस्तीण लिनेट डी'सोज, मुंबय
- मानेस्त स्टेनरो, अजेकार
- मानेस्त उदय म्हांबरो, गोंय
- मानेस्त कोनी डि'कोस्ता आनि कुटाम, नवी मुंबई
- एक अभिमानी

# आशेचें किर्ण

हे मनशा
तुज्या फुडल्यान
दर एके गवायेचो
सुर्या आसा
तप्त अशें किर्ण आसा
किर्णांत त्या
मुखावयली आशा आसा

हे मनशा
तुज्या फाटल्यान
खोल असो
अथांग दर्या आसा
नितळ निवळ उदक आसा
उदकांत त्या
अरिश्टांचो विनाश आसा

हे मनशा
तुजे कुशींत
सहस्त्र दोळ्यांचें
उंच अशें झाड आसा
पानां झडवचेलें बळगें आसा
नवे कोंबरेंत
वसंताची तांक आसा

हे मनशा

तुज्या माथ्यार
अखंड मळबाची
सासणसया आसा
ताची दया आसा
नवे दयेंत
एकेक नक्षत्र आसा

हे मनशा
तुज्या पावलांपोंदा
आमकां जल्माक घालपी
मातलेली माती आसा
मातयेच्या रुपांत
शुक्रांगणीक शुक्राचार्य आसा
नवसंजीवन आसा

जल्म मरणामदीं
एक जीवन आसा
मळब मातयेमदीं
एक रुक्ष रूख आसा
सर्वसाक्षी सुर्या आसा
तळांतल्या गर्भांत
थंड शितळ दर्या आसा

# हें झाड नव्या सुर्याक सांगता

पयसुल्ल्या मुंडोळ्यांनी
नदर भरून रावलां हांव
किर्णांक नव्या नव्यान दिवया
उब्या उजवाडाचें नांव

हुंपून यो तोच दर्या
तोच सदीचो दोंगर घाट
माथ्यार मार दिसाभार
उपाट हांगां कंठकांठ

तुज्या येवपांत गंध आसा
आसा इंद्रधोणू सप्तरंग
मन मेकळें ओलें जातलें
तुज्या वांगडा खेळून दंग

घालीत यो अशी मनमळबांत
काळी निळी हळीदुळी
ओली ओली रंगबोली
रंगांची रंगयाळी रांगोळी

# आमोरी

लूट तूं आमोरी
अशा अस्ताव्यस्त पानांची
काळ्या मळबाच्या
सावळ्या थानांची

फागूरता थंय सुर्या
हुपून दिसभरयां
दोंगर दर्या

वेंगेंत रातवेग तुज्या
आदनांत झेमता
फायची नवसया!

# सोद

जापो सोदता हांव
ल्हान ल्हानश्या चोंचींतल्यो
प्रस्न आसात म्हजे कडेन
फकत वाऱ्यार सोडटा हांव !

बांक आसात...
पयल्या बांकावयलें 'तें'
फाटल्या बांकावयलो 'तो'
तांचोच सोद घेत आसा हांव !

फळो आसा थंयच आसा
केन्ना केन्नाय वगीच तो
नुलयतना उलयता म्हजे कडेन !
फडकोय थंयच आसा
चिथ्योवन वाद्र्यो जाल्यात ताच्यो !!

फळो पुसपाचो नासताच
बरय नासतनाच हात
वता फडक्यार
'ताच्या' माथ्या वयल्या केसांनी
मोगान भोंवचो तसोच !

नदर सोदता म्हजी
ताका, तांकां --
भयाण दिसता म्हाका ती
मुखावयली बीन पावलांची जमीन
नक्षत्रांविणे काळ्या कुपांचें आसमंत !

फडको पुरायेन ओलो जाता
'तांच्या' असंख्य यादिंनीं
आनी भायर सरता अचळय
फडक्यावरीच वाद्र्यो जाल्लो
म्हजोच अंतरात्मो !

# नमो नम:

काल म्हज्या सपनांत
नेहरू आयलो  पटेल आयलो
म्हात्मा आयलो  आनी आमचो
प्रधान सेवकूय आयलो

"तुमी सगले...
सॉरी, पटेल सोडून हेरांनी
गोंय मेकळें करपाक
अतिरिक्त १४ वर्सां घेतलीं,
हांव तेन्ना आसता जाल्यार
भारत स्वतंत्र जावंचे आदींच
गोंयाक मुक्त करपाचो"....
प्रधान सेवक तावातावान उलयतालो

म्हात्मा मागलें पांय घालून
नेहरूच्या कानांत सांगूंक लागलो
"सांग रे ताका, ताचे आवयचो गुन्यांव म्हणून
ताका जल्माक घालपाक
आवयन कळाव करूंक नासलो
जाल्यार गोंयूंच न्हय भारत लेगीत पंदरा वर्सां
बेगीन स्वतंत्र जावपाचो!

प्रधान सेवकाक लजशी दिसली...
आनी तो हृदयनाथाक सोदूंक लागलो
ते तिगूय आपापल्या पुतळ्यांत
संचार करपाक सोदताले

हो मात आपलो आजून पुतळो कित्याक
बांदूंक ना म्हणून एक सारको जळफळटालो

नमो नमः
नमो नमः

# होळी - तालगडी

होळयेच्या नेंमान
नमन घालिता रे
नमन घालिता!

होळयेच्या तालान
तालगडी वाजिता रे
तालगडी वाजिता!

होळयेच्या फोंडांन
नाल्ल फोडितां रे
नाल्ल फोडितां!

होळयेच्या नाल्लान
उदक सांडियेलां रे
उदक सांडियेलां!

होळयेंच्या पार्तीलान
मेळ खेळियता रे
मेळ खेळयिता!

होळयेच्या सादान
गडो पाडिता रे
गडो पाडिता!

होळयेच्या जापेन
बोंबेची धाप मारिता रे
धाप मारिता!

होळयेच्या शिमेन
गांव राखिला रे
गांव राखिला!

होळयेच्या झुंजान
कुले सोलिल्या रे
कुले सोलिल्या!

होळयेच्या दोळ्यान
दुकांदंव व्हांवता रे
दुकांदंव व्हांवता!

# ओली ओल

सक्काळी सकाळीच
दंव
दाट जाता
तुजो जीव
मात अंधूक
धुंवरेचो
चंद्र जाता!

ऊब म्हजी

शीं सोदता

तुजें एकेक

नकसूद पावल

कुपांची वाट

चिड्डीत वता

मेंढराच्या वुलीची कांबळ

कूड

माड्डीत वता!

तांब सुर्या हांव

ओठांच्या

सुरकुत्यांक

अचळय

भेट दिता!

ओली जमीन

आनी आनीक

गर्भगळीत...!

रान...

पाचवेंच दान !!

# एक दनपार

भर दनपार
झाडापोंदा बशिल्ली
झाडापेडार

जळीमळी
हालत्यो खांदयो
हालतीच पानजाळी
.....केन्ना वोत
केन्ना सावळी

पेडांत रिगिल्लें
झाडाचें मूळ
वयर वारो
हालयतालो ताळ....
भिरीभिरी सळसळ

एक पान तुट्टालें

माथ्यार येवन पडटालें
मेंदवाच्या कुडक्यांनी रिगतालें
देठांतली पाचवीसाण
दोळ्यांनी शेळ...ओलसाण

दुसरें पान झडटालें
भुजाचेर अडटालें
शिरंतरांनी कडटालें
आकाराचें क्षेत्रफळ
वाडयतालें भुजबळ

तिसरें पान
विसावतालें मांडयेर
माणकुल्यावरी म्हणटालें
कुरु कुरु कानां
म्हशी गेल्यो रानां....
म्हशीक सोदतना
रानूच शेणटालें

चौथें पान
पावलांर न्हिदतालें
झाड नतमस्तक जातालें
म्हाकाच नवे कोंब फुट्टाले
...चरणाक फुट्टाली नवीं मुळां
आनी आंगभर धवीं पाळां

# हांव अजून

तूं भिजून थपथपिल्लें

तेन्नाच दोळ्यांत

सूख एकठांय जाल्लें

पाणी मात

रेंवट जावन गेल्लें

मळबांत बळारींची वळ
उदकार पातळाची खळ
निस्ततना आंग तुजें
साय जावन रावल्लें

उदकांतल्या तळपार त्या
मळब सकला आयल्लें
एकेक नक्षत्र नक्षी जाल्लें
वली नदर मात चान्नें जाल्लें

तुजो परमळ
अत्तराचें फूल जाल्लें
पोवंटांक आफुडपाक
नुस्तेंय सोरो पिल्लें

तूं पाणयावयर सरून
वल्यांनीच चलत रावल्लें
इंद्रधोणूचे रंग मात
पावलां जावन रांगोळ जाल्लें

करड आतां रानांतलें
तळपाचो दुस्वास करतालें
काळखाचे झिलींत
म्हाकाच पांगरून घेतालें

तूं भिजून थपथपिल्लें
हांव अजून......

# पंखो

पंख्याची परंपरा
अतिपुरातन...

ल्हानपणांतलो
म्हजे चोपडेचो पुठ्ठो जातालो
म्हज्या उबाळाची ऊब
केन्नासावन सनातन...

केन्ना बेळां तासून
उगतो केल्लो कोणो
म्हाकाच करतालो
उगडो नागडो आयणो

पंखो..केन्ना मोरपांखीं

टिम...टीम वारें जोखी

पंखो...परिवर्तनीय

म्हजे पिरायेवांगडाच

परावर्तित जाल्लो म्हजे सारकोंच..

केन्ना बटण दाबून

शिरंतरांच्या आरपार गेल्लो

झणझणीत वारो चिरंतन

केन्ना वयर हुमकळपी

पंख्यावांगडचें बेभान मन

पंखो...गवाय

तुज्या उडट्या केसांची

तुज्या म्हज्या पयल्या

मिलन रातीची!

.................

...काल एके आडसाठे चलयेन

पंख्याच्या गैर शृंगारा सयत

दिल्लो गोळ

आनी काळजांत रिगून उरली

फकत ओली ओल...शेळ!

# आडवेळो पावस

भायर
आडवेळो पावस
दाट जाला
बेबे
उडक्यो मारूंक लागल्यात
थेंबें थेंबें
पावणी सुरू जाल्या
हुंवार--
उदकावरी पयशांचो!

कट्टी--
भीक मागपाक वापरताले
आतां
नाक बुडोवन जीव दिवपाक वापरतले!

तुमचेमदीं सळसळटें रगत उरूंकना
उरला तो...
गोठेल्ल्या रक्ताचो चोथो
आनी
बुजगावण्यावरी सांगाडो!!

# आरड

हो फुट्टा

तो फुट्टा

बैलाक पळोवन

बेबो तटतट्टा

बेबदो उलयता...

३६ इंचवाली फुलयता

झोपाळो धोलयता

तो पक्ष बरो काय हो पक्ष बरो

आपल्याच सोंडकुटार पालयता

पोट तें
भरपाक जाय
तटांयच करून फुटपाक जाय
मतदारांक पिशांत काडूंक जाय
कार्यकर्त्याक म्हणून आड्डूक जाय
हळूच शेंपडी भों×त घालूंक जाय

शबय शबय शबय शबय शबय$$$$

शबयची बावली
तारीकडेन पावली
झाकले मुठींत मुद्रा गावली
मतदारांनी कट्टेंत नाकां बुडयली

जालें एकदांचें मतदान
आतां पांच वर्सां हुस्को ना

मारात आरड
पुनः पुनः
पुनः पुनः
नमो नमाः

# हो देश म्हजो

हो देश कित्याक जालो भिजुडांचो?

हो देश कित्याक जालो हिजड्यांचो?

माचयेर रावून अन्याय सोसूं नाका म्हणप्यांचो
माचये सकयल मात अत्याचार करप्यांचो
ताचेआड आवाज काडिनासतना रावप्यांचो
हो देश कित्याक जालो भिजुडांचो?

हो देश कित्याक जालो हिजड्यांचो?

बावटो हुबोवन ताचोच सोपूत घेवप्यांचो
गीतेर हात दवरून खरें तेंच उलयतलो म्हणप्यांचो
प्रत्यक्षान मात फटूच मारप्यांचो

हो देश कित्याक जालो भिजुडांचो?

हो देश कित्याक जालो हिजड्यांचो?

# म्हाजन आमी

देऊळ आमी बांदलां
देखून तुमकां
वेगळें सांगपाची गरज ना!
आमीच म्हाजन...!!

देवळांतलो देव आमचोच
पुजारीय आमचोच
आमीच बसयला ताका
थंय आमच्या देवळाचे सरवळेंत!

तुमकां म्हाजनाविशीं
कांयच उलोवंक मेळचेंना!
एक अलिखीत फतवो..!!

तुमी फकत देवळांत येवपाचे
'आमच्या' देवा मुखार
साश्टांग नमस्कार घालपाचो!

आमचे एके परातींत
फुलां, नाल्ल, उजवाती घालपाच्यो
दुसरे परातींत पयशे घालपाचे
मोन्यांनी नतमस्तक जावपाचें
तुमचें गाराणें आमीच नेमिल्ल्या
पुजाऱ्याक सांगपाचें

तुमचे खातीर तो
आमकां जाय तशेंच सांगणें घालतलो!

तुमी जाका अन्याय-अत्याचार म्हण्टात
तो कालचो आनी आयचो न्हय
तो वर्सांसकींचो
तो पिळग्यां पिळग्यांचो!
जाय जाल्यार सोंसात
नाजाल्यार....

बस्स!
तुमी तिर्थ घेवपाचें
प्रसादाचें फळ घेवपाचें
आनी सोंपणां देवून
तडक चलूंक लागपाचें!
गर्भकुडी सावन गर्भाशया मेरेन!!

खबरदार,
आनीक कितेंय चड मागशात जाल्यार!

पयस खंयतरी
लघुजनांच्या काळजांतल्या देवळांत
घंटानाद जाता....
तांचेर पडिल्ल्या वागऱ्या वरीच
तोवूय बी मोनो मोनोच!!

# सुर्या पिळग्यां पिळग्यांचो

तुका समजून
हांवें तणाचे पातयेक
वेंग मारली
पातयेवयल्या थेंबाक
वेंग मारली

थेंबों -

मशागतीच्या घामाचो
संघर्शाच्या दुकाचो
तेवेंतल्या ताळटावयलो
हड्ड्या पोंदच्या काळजाचो
वेंथभर पोटांतले भुकेचो
बोंबलेच्या देठांतलो आंगुळभर व्यासाचो
पोटांत जिरयल्ल्या खारसाणीचो
कुडींतल्या गुंज तांबड्या रक्ताचो
इंद्रधोणूच म्हणून समाधान मानपाचों!

सुर्या शेतांतले मातयेंत मात
मात मात
घाम किल्लयता
दुकां सुकयता
ताळटा झरयता
काळीज कालयता
भूक चाबडायता
बोंबलेच्या देठाक आड्डयता
खारसाणीचो शेदंव मुतयता
रक्त आटयता!

असले कितलेच सुर्या
मातयेंत एकरुप जाले
पिळग्यां पिळग्यांनी!

# भास

गरिबीची जमीन
अजुनूय सारयतालो तो शेणान
पुरोवन उडयतालो
त्यो परंपरीक, इतिहासीक
भेगो - देगो आनी फटी

त्या पाणयाचो परमळ

जिरयतालो खोल खोल

वावझडीची ओल

शेळ जावन

रिगताली मनांत

समाधान अजून पडवेर येवन

सोप्या सकयल्या घुडांत

तांतयां घालतालें

पिलां जावंच्या आदींच

फांतयां किलबिलतालें

सुर्योदय-

भास जातना दिसतालो

पुर्वेक

केन्ना पूण जातलो

हे आशेन

स्वताचोच अस्त करीत

अस्तंतेक..

नवो दीस उदेतलो

हे आशेन

पिळग्यांच्यो पिळग्यो

देवालयांत गेल्यो

लयांत गेल्यो

कितें मागचे आदींच!

# तुळा

प्लॉट म्हजो
हांव विकता..

देश म्हजो
हांव विकता!

१८. बीं तें भात

भात जगता
कणाखातीर

कण जगता
गोट्याखातीर

गोटो जगता
शिताखातीर

शीत जगता
उणयेखातीर

उणी जगता
भुकेखातीर

भूक जगता
जिवाखातीर

जीव जगता
तुजेखातीर

तूं जगता
म्हजेखातीर

हांव जगता
बिंयेखातीर

बीं जगता
भाताखातीर!

# पांदरो

पांखाटे आसून
पांदऱ्यांत पडिल्लेवरी जालां

पांदरो नासून
कुडीक अंदून बांदिल्लेवरीं जालां

म्हाका मळबाची उंचाय
मापपाची आसा

झाडांनो तुमी
कित्याक जाल्यांत बुटकी?

दोरखंडाचे फांस
आमचें कांयच करूंक शकनात....

आमकां अनंत वर्सांची संवय आसा!

# सत्री आनी तुजो पावस

तूं सत्रेंत
आसता
तेन्ना
झणझणीत
वारो
मारता

सरयोय
वांकड्यो
जातात

वयलें
पाल
हुबता

तेन्ना
भितर
खांदावयलो
पदर
निसरता

हांव
म्हजे
म्हाकाच
विसरता

पावस
चींब
झडटा

स्वास
थेंब
थेंब
कडटा

# केन्ना केन्नाय

केन्ना केन्नाय
हांव
वारो जाता
आनी तूं झाड

तुज्या मळबांतल्या
जनेलांतल्यान
दारांतल्यान
हांव भितर सरतां

तुजें वस्त्र
झडयत झडत
जाता काया
केन्ना परकाया

वसंत पिकयता
गाब पोटेरांत
नवरुप्याची जाग
नव्या घोटेरांत !

# मनांतलो पावस

मनांतल्या पावसांत भिजून गेला
गडद तुजो कोर
झडयत पांखां थुयथुय नाचता
इंद्रधोणूचो मोर

शेरवडाक रंग चडला
धवे फुल्ल मातयेंत
हातायेदो हातो दडला
केगदीच्या जुव्यांत
चरव्यांत लिपून रावला
नवो भांगरा पोटेर
दुदा दीख दसून उरला
पाडकाच्या ओठार

अथांग तुजें मळब पावलां
तळ्याच्या तळांत
मोनी सांज गाभाक येता
काजुल्यांच्या जाळांत
वाट पळयत दारांत उबी
आमुरपिकी आमोर
जळीमळी आंगणी फुटला
नक्षत्रांचो चंवर

शिरंतरां घालतात फुगडी
आकुडटा अंतरांत वावशी
मजा घेत वावझडीं
सुकणीं भिजतात पावशी
कालचे मेथयेचो दाग
अजून हाताच्या तळव्यार
ओलो पावस तरनो जावन
फुलां माळटात पांचव्यार

# पडबींब

लकल्यात माड माडयो
मळबाच्या भारान
तुडूंबलां पाणी
पाचव्या पाचव्या कोरान!

लिपल्या लामारेंत
दनपारची भूक
गरयता पोर
पाणयांतलें सूख!

उदकाच्या आरशार
पडबींब ताचें
पोटा - पाणयां तळां
घाय भळाभळा!

# मागणें सैम प्रतिनिधीकडेन

झाडा कडेन मागन हांव
मातयेंत खोल रिगपा खातीर
तळव्यांक मुळां दी
कण कण वेंचूंक पाळां दी
तळा थळा आंतरजाळां दी

आंगाक निबर चिलखताची
वातडवयणी साल दी
वत वारें सोंसपाची धाल दी
मनां संवेदनां ओल दी

ताळटांतल्या रेघांवरी
वाडटी चडटी वाल दी
आमोरेक घोसाळेचें फूल दी
मुठींत रंगबेरंगी शब्दूल दी

कातीक ल्हंवे कणकणी
नवे नवे फागूर दी
सातरंगी कोर दी
इंद्रधणुचो मोर दी

उतराक म्हज्या शब्दकळ दी
गोड म्होवाळ फळ दी
रसाळसो गंध परमळ दी
तुजीच शक्त आनी बळ दी

# झाड झडटा आनी....

झाड झडटा

पान पान पडटा

व्हाळ व्हनयळटा

घेवन पानानपान!

बोडकें जाता बोंड
आंगभर आंकुरता
फागूर फांकारता
घेवन नवो कोंब!

पालय पालेता
फुलां फुलयता
म्होंव गळयता
सवण्याचे चोंचियेदें!

चंवर चंवरता
फळ पळयता
चानो कोंचयता
एक बीं रुजता !

तूं झाडावरी...
हांव मात
तो व्हाळ
तो कोंब
ती चोंच
तो चानो...

...बीं रुजवणां येता!

# हांव

हांतरुणार पडटकर
हांव खुरीस जाता
झापडी लागता
मृतात्मो जितो जाता

दोळे धांपतकर
भायर काळोख जाता
भितर उजवाड सोदता
....अंतरात्मो बुद्ध जाता

# तान

तुज्या वरीच
तें ल्हार
लोळत लोळत येता
उग्र रुप घेता
मारताच उडी
करकचून आंवुळटा
वेंग आनी वेग एक जाता
आलतड पलतड नांवाक उरता

तूं हांव...
वेंग आनी वेग
ल्हार आनी दर्या
चल पिवून घे...
भागोवया तान
तुजीय - म्हजीय...!

# म्हाका काळ वेळ लागना !

म्हाका काळ वेळ लागना
मळबांतल्यान कोसळटा हांव
तुज्या विलुदी झाडाचेर
माथ्यावयल्या केसांचे कोंबरेचेर
केन्ना तुज्या लुगटाच्या पानांचेर
झिरपत भितर तुजे कातीचेर
रिगत गांयडोळ जावन
तुज्या खडपांतले मातयेचेर

तुज्या तनांतली वाफ
म्हज्या मनांतली ऊब
शिरशिरून येता....
तूं हांव एक जाता...!

पळय तुज्या खांदया खांदयांनी
थेंब थेंब कशे आटल्यात
वाफेन कळयो फुटल्यात
ऊबेन गच्च दाटल्यात

मदींच मस्तो वारो आडखळटा
परतून हांव धो धो कोसळटा
थेंब थेंब तुज्यांत विरघळटा
माती तुजी वथांब्यांनी मिसळटा

म्हाका काळ वेळ लागना...!

# आमोरी

मोराची पांयजणां घेवन
आमोरी घरानघर येता

केन्ना ती सवणें जाता
घोटेरांत येता
पिलांक ऊब दिता

केन्ना ती गोरूं जाता
गोठ्यांत येता
पान्याक तिच्या
पाडकाचे जिबेची चट लागल्या

केन्ना ती कामगार जाता
घरांत येता
आयज जोडून हाडिल्ल्याचे
वांटे करता

जोड एकेका बोटाक लायता
लाब
दोन
तीन
चार
पांच....
तिची बोटां सोंपतात

बोटां सकयल
ताळटाचेर
खिणांचे नकाशा जाल्ले आसतात

त्या झरिल्ल्या रेघांमदीं
तिका भारताचो नकासो दिसता
ती जमनीक पोट तेकोवन न्हिदता
आनी
दिसभर माथ्यावयलें वजें ल्हव करपाक
घेतलेली चुंबळ
केन्ना माथ्यापोंदचें उशें जाता

आमोरेक संपन्न अशें
सपन पडटा
तिका सपनांत धुंवरीशी दिसता
ते धुंवरेतल्यान अस्पश्ट जावपी
अच्छे दिन....
....तिचो ती फाटलाग करता
ती धुंवरीच आसता...

फटिंगानो ऽऽऽऽ
आमोरी सपनांतूंच आड्डता...
ती जागी जाता
ती उठून बसता...
ताळटाच्या खिणांवयलीं
पांचूय बोटां मोडटा...
कटाकटा... कटाकटा...!

# दुराय... सामाजीक दुराय

तो आजुनूय थंयच
पसऱ्यामुखार उबो आसा
एकेका रांगोळ
घाल्ल्या वर्तुळांनी
सकाळ सावन
सामाजीक दुराय आपणायत....
एका हाताचे पोतयेंत
वारें भरीत
दुसऱ्या हातांत
दोनशी रुपयांची नोट चुमडून...
आनीक इल्लोसो जेश्ठ नागरीक जायत...

ह्या हातांनी
कितल्यांशाच लोकांक
दान केल्लें
तो बार्जीर आसतना
लांबलचक दोरखंड आसचें
तितलें....
ह्या हातांनी
पुताच्या लग्नाचें सपन
फळादीक केल्लें यजमान जायत...

भुतकाळ सुंदर आसलो...
त्या भुतकाळांत
भविश्यकाळाची तो
अतिसुंदरताय सोदतालो...

हांगा ही
सामाजीक दुराय
वर्तुळा वर्तुळा मजगतीं...
आनी घरा...
सामाजीक दुराय
चौकोनी वणटीं मजगतीं....
येजमान म्हणून
काडिल्ली धडवत
पोरनी जावचे आदींच....!

# तो गेल्या उपरांत

तो गेल्या उपरांत
पत्रावळ गुंथिल्लेवरी
यादिंचो एकेक मिर्ग
दोळ्यांनी दाटता

कोगळाच्या कोराची
एकेक काळी मुंडली
दसणीच्या परागरेणुवरी
तांबूस तांबूस जाता

मुंडले कुशिनचें
एकेक धवें कूप
शेरवडाचे कोंबरेवरी
शिरांशिरांनी जोगलायता

अफाट मळब गडगडटा
तेन्ना काळीज धडधडटा
एक भयाण निनांवी वादळ
मनांत सळसळटा

पोल्यांच्या शेतांनी मागीर
अचळय पावस दैंवता
झऱ्यां वझऱ्यांचो बांद
हड्ड्यार येवन फुट्टा

घराचे भितयेंत बांदिल्लो
मल्लांचो झोड
यादिंच्या बुराकांची ओड
वावझड झडयता

शेदंव दंव जाता
ताची याद विसरून वता
जमीन परतून एकदां
नव्यान उबी जाता

घाय पेखता तशी
नवी खवळी येता
पाचव्या भुरमुट्यांवरी
नवो रोव किल्लून येता!

# कालचो पावस

म्हजो पावस रातचोच झडटा

रातीय तो असोच पासयेक

येवन झडून गेलो

चिंब भिजलीना
जमीन तुजी?

हे खेपे
गडगड ना
जोगलावणी ना
वारो ना
वादळ ना
तुफानूय ना!

शीं मात आसा
वावशीय आसा
वावझड आसाच!

मोन्याचो पावस
अबोल पावस
किण्ण पावस
गडद पावस!

आतां रात सोंपली....
नवो सुर्या उदेलो!

तुज्या गर्भांत मात
इंद्रधोणू!

# असो पावस

झिरझिरत आयल्लो थेंबो
वगीच जिभेंत दडटा
अमृताचो गोड चोंबो
तुजे कवेंत कडटा

तुजो पावस बोचरो
कुडकुड्याची नशा ओडटा
म्हजो मात चोचरो
नुलयतना पिडटा

मिर्गाची माया पावस
आडवेळा पडटा
मातयेची काया घमघम वास
वाटेवयले फुतफुतत भेट्टा

सत्रेआड तोडवो पावस
ओठांर नवो कोर चडटा
वावझडीचे बंदपास
सदळ जावन शेणटा

काळ्या मळबाची छाती
कूप जावन झडटा
ओली ओली माती
चिखल करून सोडटा

# सोदता हांव

आजून खूब पयशिल्लो प्रवास उरला...

वाट सोंपून सोंपना...

वाट सोंपतली

काय म्हजो प्रवासूच सोंपतलो?

ह्या प्रवासांत
म्हाका केन्ना केन्ना वाटेर
गर्दैतलो म्हजो देश गावला
ह्याच गर्दैच्या देशांतल्या
ल्हानश्या शारांतल्या
गगनचुंबी इमारती आडसाचे झोपडपट्टींत
हांव.. वर्साच जालीं
दर बुनयादीचें चुंबन घेयत आसा
इतलें चुंबन...
आतां चुंबनावयली वान्साय गेल्या!

पिकास मारून तळपां फोडपी हांव
निगरगठ्ठ काळजाचो हांव
घरच्यांची याद आयल्यार
काळजाक हात लावंक मेळना म्हण
एकार एक यादिंच्या कपयाळ्यांची
गोदडी गच्च छातयेक वेटाळून घेवपी हांव
आयज साप्प गळसणला हांव
म्हज्या घरच्यांक साणला हांव!

म्हजो काळजांतलो गांव
दीस रात वाट माड्डयत
त्या गांवांतलें म्हजें घर
सोदता हांव!
घरांतल्या दर एकल्याचें
काळीज सोदता हांव!

ते तकले वयले
शिरो झल्लेले जाणटे हात
आयज चड सोदता हांव
तिणें वेंगांयल्ल्या मोगाळ
हातांची ऊब
आयज चड आनी चड
सोदता हांव
तें माणकुलें भायर येवंचे आदींच
तिच्या आठव्यारूच
तिका मोगाची गरज आसतना लेगीत
अर्द्यारूच सोडून गेल्लो हांव
हय, तोंच हांव
त्या माणकुल्याची
पावलां सोदता हांव!

कोणाखातीर जगता हांव?
म्हज्या खातीर?
म्हज्या घरच्यांखातीर?
घरच्यांच्या भविश्या खातीर?
देशाखातीर?
असो फडफडून तळमळून
मरचे खातीरूच जगता हांव!

# थेंबों

थेंबों थेंबों पावस
थेंबों थेंबों दंव
मळब हांव
झिरपता पांखें जावन

आवयच्या कपलावेली पिंजर
देंवता नाकाच्या तेमार
थेंबों थेंबों घाम
कश्टांचें माप जावन

ओठांतली चिंव
सोंदता थाव
थेंबों थेंबों दूद
मायेचो पाझर जावन

# पावस

आयज पावस येतलो देखून
जमीन आशेवन रावल्या
ओले चिंब काजीपोंदां
घोडकां दोन गावल्या

नव्या रुपांत सुटलां वारें
सत्री परतूंक रावल्या
थेंब थेंब आंगांत जिरोवंक
ओठ नव्यान चावल्या

जोगलावण्यांचो चल्ला नाच
आमोरी न्हिदूंक रावल्या
काजुल्यांक दित जाग
सरी मुखावयल्यान धांवल्या

गडगडाची बिंयां
जमनीभायर येवंक रावल्यां
नव्या गर्भांत
पावस येता जमनी भेटेक
तूं म्हाका मेळचो तसो
ओली करता माती म्हजी
नव्या बियांक फागूर पिसो

# तुजी उगती सया

म्हाका तुजें
उगतेंपण आवडटा
तुजेवरीच
तें निर्वस्त्र झाडूय
खूब्ब आवडटा!

तें उगतें
कृष्ण धवल हयन्हयशें
कुपांच्या थानांतलें
मळब आवडटा!

त्या उक्त्या मळापोंदचें
तें ल्हारेवपी
माणकुल्या चोंचितलें
हळडुवें शेंत आवडटा!

ती तेफळ
उगत्या रानांतली
आनी तिचेवयलो
कांट्याच्या आकारांतलो दोंगर आवडटा!

तूं जा तेफळीचें झाड
पानन पान झड
आनी निर्वस्त्र जावन
निपचीत पड!

तूं जा मळबांतलें कूप
थान थान अपरुप
आनी पावस जावन
दी जाप!

तूं जा ल्हारेवपी शेंत
पोटरांतलें भात
कणसाक दी चंद्रकोर
सैमा येत!

# पयलो पावस

पयलोच पावस
वाऱ्या वादळाचो
इल्लीशी वावटळ तुजी
वादळ - वारो मात
तुज्या म्हज्या संमेलनाचो...

पयलोच वास
अर्द ओले मातयेचो
गात्रां सदळ करपाचो
गंध खांकेंतल्या घामसाणीचो
अचकीत घेतिल्या उम्या - चुंबनाचो...

पयलोच पिंपळ
झडटा रंध्रांरंध्रांनी
पान पान मात
तुज्या पेडा भवतणीं
म्हज्यांत वसंत थरथर कंपनाचो...

पयलेंच सांवर बोंड
फुट्टा म्हज्या खांदया खांदयांनी
बीं मात तुज्या पोटरां
पयस पयस कापूस कुपांनी
सळसळ गर्भकुडींत पाचव्या कांकणांचो...

पयलोच पावस
तुजो म्हजो
मळब जमनीच्या
नव्या नात्याचो
पयल्याच मिलनाचो...

# म्हज्या सारकेंच!

ताका खांदी खांदी
नवी कोंबरी फुट्टा
ल्हवेकणकणी शिरंगारता
म्हज्या सारकेंच!

तें हात वयर करता
कापूस वेंगायता
मळबाक माथें तेकयता
म्हज्या सारकेंच!

तें चंवरता
शिरंतरांनी शिवंरता
म्होंव गळयता
म्हज्या सारकेंच!

तें फळटा
काळीज परमळटा
तोंरे गळयता
म्हज्या सारकेंच!

ताचें एकेक मूळ
मातयेंत खोल रिगता
पावल पावल जिरता
म्हज्या सारकेंच!

# पावस मनांतलो

असो ओलो ओलो
पावस मनांतुलो ।।

भिजयता उगडासांची रास
जायां मदीं पोडा पोडार
सुट्टा घमघमीत वास।।

तुजे तरने तरने नदरेंत
दोळ्यांतुलो भास
ओड तुजी पयस पयस
तळ्यांतुली आस।।

# मनांतले रंग

आमचें मन
आयजूय त्या रंगान
भिजून गेलां!

शेणाच्या कोरांत
सारयल्लें तें खळें
आवयच्या हातांतल्या
सादलेल्या कांकणांच्या
आवाजांत रंगून गेलां!

गोठ्यांतल्या
पान्यांचे शिळकेचो
धवल कोर
दनपारचे भुकेंत
चार गोट्यांच्या आंदणाक
सांगून गेला!

पडवेवयल्या पाडकाचें
उणें करून लुंचण
गोडुल्याची पाचवीसाण
दाडमणांक दित
ताचे उपासमारेक
आमची खोस परगटायत
रवंथीचें नाटक
बेस बरें रंगोवन गेलां!

घराच्या कश्टांतल्या
मातयेच्या पाऱ्यांक
मातये कोरांतूंच
बुडयल्लो आंगसो
कोरो रेवों आंगारो जावन
ल्हवे कणकणी
लेपडावन गेला!

मनांतलो दरेक रंग
मनांक खोल खोल
रंगोवन गेला
धुळवड मनोवन गेला!!

# अस्तुरी

अस्तुरी उजवात
स्वता जळटा
परमळ दित

अस्तुरी मेणवात
स्वता जळटा
उजवाड दित

अस्तुरी अत्तर
स्वता विरघळटा
कस्तुरी जायत

अस्तुरी झेल
स्वता विरघळटा
द्रव जायत

अस्तुरी दुर्गा
स्वता देवता
रणरागिणी जायत

# ती

बायल -

आवय

धर्तरी माय

बायल -

भयण

सांतेरीची रोयण

बायल -

सून
गर्भ धून

बायल -

ओल
काळीजखोल

बायल -

मूळ
कस्तूर परमळ

बायल -

ताळ
पिळग्यांची नाळ

बायल -

आई
बाय

काकी
मावशी
मांय

# हो चंद्र तुजोच

मळबाच्या आरशांत
पयलेच खेपे पळयलो
तुजो अर्दचंद्र
नक्षत्रांचे राशीचे माळयेर

नवो दंव तेन्ना
थेंबो जावन न्हातालो
चंवराचे ताळयेर

चंद्र एक हात पैस आसलो
तेन्ना कोंचून काडिल्लें चान्नें
विसव घेतालें कळयेर

आनी फुलांबगर परमळ
लोळटालो
फाटीयेदे फळयेर

कुपांआड जाल्लो चंद्र
हुस्कारतालो हुंकारतालो
तुजेच जाळयेर

आनी एक अनवळखी
चिरपुटांनी आवाज करतालो
दाराचे खिळयेर

तुज्या चंद्राची वळख
म्हाका नवीच आसली
देखून फुंकतालो नळयेर

थंय माडाचे पयलेच पोंयेची
फुलां तरंगताली
देगेवयले तळयेर!

# पंचेंद्रियां

दोळे...

तुमचे दोळे फुटल्यांत!

तुमकां

बरेंय दिसना

आनी

वायटूय दिसना!

जीब...

तुमची जीब लुळेल्या!

तुमी

बरेंय उलयनात

आनी

वायटूय!

नाक...

तुमचें नाक चोंदलां!

तुमी

उस्वास घेनात

आनी

वासूय !

कान...

तुमचे कान भेरेंल्यात!

तुमकां

बरेंय आयकूंक येना

आनी

वायटूय!

कात...

तुमची कात गेंड्याची!

तुमकां
घाल्ली फूंक जाणवना
आनी
चिमटोय!

त्या गांधीचें चुकलेंच
तोंडार हात
कानांर हात
दोळ्यांर हात

तांणी सांगिल्लें
वायट - उलोवंक नाका
आयकूंक नाका
पळोवंक नाका!

तुमी सगलेंच सोडलें!!

आयज
तुमचे संवेदनेचें मडें
मनांतले मसंडेंत
मसंड शांततायेचें
एकेक घर बांदता!

# पूल

दरेका मनाचोे पूल
धडाधड कोसळपाचो
भंय दिसपाक लागला
..... भितरलें लोखंड कळम्योवंक लागलां!

काळजाचे खांबे

भूंयकांप जाल्लेवरी

थरथरपाक लागल्यात

...... शिमीटाची तांक सदळ जायत चल्ल्या!

कुडीकुडीच्यो वणटी

जातीं धर्मांमदीं

वेंरून गेल्यात

..... उदकांतली ओलसाण वाफ जाल्या!

कालच्या भारताचो तो अथांग दर्या

तुजो म्हजो दरेकल्याचो....

आयच्या भारतावयलो

नवो पूल

नवे खांबे

नव्यो वणटी...

दर्याय नवो जाला...!

नवें उदक

त्या उदकांत

कागदीच व्हडीं!

नवो भारत...

आयदणाक कलय काडिल्लेवरी!

# म्हजी शाळा

म्हजी एक शाळा आसली...!
ल्हानशी, भुरग्यायेदी
निरागस, निर्विकार!

शाळेक चार वणटी आसल्यो
चिऱ्या मातयेच्यो...
जाति - धर्माच्यो नासल्यो!

वयर पांखें आसलें
पांख्यांपोंदां कणके वांशे,
वांशे - दोन जातिंच्या खांब्यावयले आडें आसलें...
आयच्या सारके बरई्योवंक नासले

शाळेक जनेलां आसलीं...
भितल्ल्यान भायलें आनी
भायल्यान भितल्लें दिसपासारकीं, पारदर्शी....!
आयच्या सारकीं
भितल्ल्यानूच भायर पळोवपा सारकीं,
नदरेची धार मुडांवपी नासलीं

शाळेंत एक मेज आसलें
मेजार हजेरीपट आसलो
हजेरीपटांत दर एकल्याचें नांव, आडनांवा सयत आसलें
...आडनांवावेल्यान जात वळखुपाक कळं नासलें
...पालक शिकूंक नासले

शाळा प्रार्थना गायताली
..... 'तुही राम है तूं रहीम है
तूं करीम क्रुष्ण खुदा हुआ....'

प्रतिज्ञा : ओठांतली आनी पोटांतली
चिमटी चिमटी वाट्टाली
देवळांत पंचखाद्य वाटची तशी...

वसंतपुजेक दोण्यांनी उसळ वाटची तशी...

प्रतिज्ञा ओठांतली :

'भारत माझा देश आहे

सारे भारतीय माझे देशबांधव आहेत....'

ती आयचे सारकी नासली!

प्रतिज्ञा पोटांतली : 'माझा मतदारसंघ माझा देश आहे

मला मत देणारे सारे मतदार माझे बांधव आहेत

मला मत न देणारे माझे गुलाम आहेत!'

शाळेच्या चारूय वणटीचेर बरयल्लें....

पुर्व, पश्चिम, दक्षिण, उत्तर....

आपूण करीन... ती पुर्व

आपूण सांगीन... ती पश्चिम

वावझड मारता... ती दक्षिण

आनी उत्तरेक खिळ्याक लावन हुमकळायल्लें

गांधीजीचें पायणेंल...

पायणेंलांत सामकें सकयल बरयिल्लें

'सत्यमेव जयते!'

वारें येता तशें धोलतालें पायणेंल

आनी धोलतालें 'सत्यमेव जयते'!

# म्हादय

हे माये हे म्हादये
मंडोदरे सासाये ।।

सैमसृष्टे काळीज खोलाये
व्हांवते शिरंतरे हे गात्राये

दोंगरपर्वते मळब उंचाये
स्वास उस्वासे हे प्राणवाये

जलरसाळे भांगरसाळे काये
शेत जमीन साये हे आवये

उलो तुका अस्मिताये
लक्तुबाये हे अपुरबाये

झरेवझरे तरशे पाणये
सुकते गोटे पोंल कणये

आमचे शीम मेर वंये
दये माये हे प्रीय प्रिये

अंतरिचे हे दिव्यताये
कोण पिये हे न्हंये

पाशाण घण वज्र छातये
दी वरदान हे मातये

# म्हजो पुर्वज - पुर्वपुरीस

आमच्यो कितलेश्योच
फाटल्यो पिळग्यो काळखातूंच गेल्यो!

रातीची सुरवात
'कामरूण घेयात वग्गी न्हिदात'
म्हूण आड्डून सांगपी तें सवणें

मध्यानरात केन्ना जाली
ताची गवाय -
'टक टक' आवाज करीत
उडत वचपी
तो टको

पारतंत्र्य तें स्वातंत्र्य अशें टप्पे भोगीत
सुदारणा जायत गेल्लो
गळ्यांतलो ताळो सुटिल्लो-
सुर्वेक पाटल्यापोंदा
मागीर वांगडचे नवरुपे कोंबये वांगडा
अचळय घुडांत
त्या उपरांत त्या गल्ल झाडार बसून
दर फांतोडेर उठून

न चुकतां साद घालपी-
तो कोंबलो

आमच्यो कितलेश्योच
फाटल्यो पिळग्यो काळखातूंच गेल्यो!

दर रात
उमाशे आदली रात
काळखी रात
तुडूंब खोल काळखाची

पोरा बाळांचें फायचें पोट कशें भरतलें
हे चिंतेन
जमनीक पोट तेकोवन न्हिदपी
म्हजो पुर्वज - पुर्वपुरीस

दोन बैलांचे मानेर
जूं दवरून
जमनीचें नशीब चिरीत वचपी
तो नांगर, गुटो
आनी त्या नांगरा गुट्याक
मार्ग दाखोवपी
म्हजो पुर्वज - पुर्वपुरीस

चिरिल्ल्या जमनिंतल्यान
वयर सरपी तीं कणसां
-कोणा कोणांचे मतीन तें भांगर!

हेर जाण म्हणटात म्हूण
आपुणूय भांगर म्हणपी
म्हजो पुर्वज - पुर्वपुरीस

दर दिवाळेक
त्या कणसांचे
त्या भांगराचे केल्ले
सुदाम्याचे फोव!
ते ताळ्यासकयल देवयतना
सर्वार्थान सुदामाच जाल्लो
म्हजो पुर्वज - पुर्वपुरीस !

पाड पडूं त्या नरकासुराचें
दर वर्सा ल्हासून मारता
पूण अंदू वर्सा नवो नरकासूर
तयार जाता
म्हज्या पुर्वजाचे - पुर्वपुरीसाचे गरिबीवरी!

मुखावयली पिळगी
मुखारूय मनयतली दिवाळी
करीत म्हाकाच सुदामा
म्हणटली काय म्हाकाच
म्हजो पुर्वज - पुर्वपुरीस!

# बंदूक काय लिखणी?

... आतां हातांत

एक बंदूक जाय

गुळयो घालपाक

छाती जाय

हे लिखणेंतली

शाई आटली

मुणांवली धार

अक्षरांफाटली

... आतां हातांत

एक बंदूक जाय

लिखणी भायर सरना

म्यान कळमेली

तकली नांवाच्या खोक्यापोंदचो

मेंदू कळमेलो

... आतां हातांत

एक बंदूक जाय

झाड रोय

कुराड जाय

खण दोंगर

काड भांगर

बुराक मारुंकूच जाय

... आतां हातांत

एक बंदूक जाय

कोणाक तरी
पिसो जावंक जाय
बेछूट तकलेन
सुटूंक जाय
... आतां हातांत
एक बंदूक जाय

दर राती सपनांत
गांधी येवंक जाय
ताच्या बावळ्यांक धरून
कचकचीत हालोवंक जाय
.....अहिंसेचीच हिंसा करूंक जाय

आजुनूय दिसता?
....हातांत बंदूक जाय?

आवाजाचे पडसाद
कानानकान गाजतात
तरसादेचे धारे परसूय खर अशी
एक लिखणी जाय!
एक लिखणी जाय!!

आशावादी प्रकाशन

यदाहं जीवमि, अहमाशंसे